मोतयांची माळ

प्रशांती तळपणकार

बिम्ब
प्रकाशन

852
Short
Story
PRA

Konkani 0008559
Konkani in L: B01 - R.02 (Dev.A)
A-Novel Devanagery script

मोतयांची माळ

प्रशांती तळपणकार

भारतीय भाषा संस्थान (भारत सरकार)
की ओर से भेंट ।
मैसूर-570 006
Presented with Compliment from
the Central Institute of Indian Languages
(Govt. of India), MYSORE-570 006

बिम्ब
प्रकाशन

मोतयांची माळ
(बाल साहित्य)
प्रशांती तळपणकार

MOTAYANCHI MALL
Children's stories by
Prashanti Talpankar

प्रकाशन क्रमांक 51

©वेद प्रभुदेसाय

पयली आवृत्ती
2006

छापणावळ
इंप्रेशन्स, बी-2, अक्षर आर्केड
3390/4, गोंधळी गल्ली,
बेळगांव 290005

अक्षर जुळणी
बिम्ब प्रकाशन

हें पुस्तक गोवा कोंकणी अकादमीच्या
बाल साहित्य येवजणेखाला छापलां

मुखचित्र-चित्रां
वीणा कांबळी

प्रकाशक
कामिनी किणी
बिम्ब प्रकाशन
पर्वरी, गोंय

मोल
60/-

852
Story > Dev
PRA

म्हज्या गुणेस्त विद्यार्थ्याक

सर्गेस्त जयेश प्रभुदेसायाक

मायेमोगान

खंयच्या पानार

1. बेबकेची सत्री 5

2. रागार गेऽऽ फुगार 7

3. मोतयांची माळ 9

4. सोनाबाय 12

5. कुसकी आबोली 14

6. बेबी हुमलीण 18

7. जादवाची गाडी. 26

8. ह्युबर्ट वता गरोवंक 28

9. हर्बी धरता चोरांक 32

10. हर्बी वता फॅस्ताक 35

11. हर्बी घर सोडटा. 38

12. चॉको गोगो 42

13. शाणू-गुणू 49

14. ऋचा आनी बोमाडो 56

बेबकेची सत्री

पावस खूब पडटालो.
पीटराक मज्जा दिसली.
मम्मान ताका नवीताल्ल सत्री
हाडिल्ली. ती घेवन तो पच्
पच् उदकांत नाचतालो.

तळये बांदावेल्यान ताचो नाच बेबकी मावशी आनी धाकलें बेबुल्ली पळयतालें.

“मम्मा, पीटरा सारकी तांबडी तांबडी सत्री जाय” बाय बेबकुलेन बेबकी मावशेक म्हळें.

“आगो बाय, तो पांच वर्सांचो. तुज्यान जाता येदी व्हडली सत्री उखलूंक?” मावशी बेबकी.

“हय हय जातली !”

हट्टी भुरग्यांक कितें करप? तळयेलागीं गरोवप्याची आसली एक सत्री. ओडीत ओडीत बेबकेन ती हाडली.

“घे, उगड सत्री आनी नाच!” बेबकी आड्डली.

येदी व्हड सत्री उगडूंक जाता? ना! बाय बेबकुली रडूंक लागलें. हांगा पीटर नाचता, बेबकी थंय रडटा. पीटराचें बेबकेचेर एकदम लक्ष गेलें. “कितें जालें बाय?” पीटरान विचारलें. बेबकुलेचो सत्री-हट्ट आयकून पीटराक आयलें हासूंक. ताणें धांवत वचून एक अळमें तोडून हाडलें आनी धाकले बेबकुलेक दिलें. ही सत्री पळोवन धाकटुली बेबकी खोशी जाली. बाबूवांगडा नाच नाच नाचली.



रागार गे ऽऽ कुगार

तरूषबाबू घराचे इस्कादीच्या
सोपणार
बसलो.
ताची दीदी,
मम्मी, पप्पा
मात एडी
अंकलागेर
भितर गेलीं.
कित्याक
जाणा ?
तरूषाचे
नाक ार

बशिल्लो 'रागोबा!' खरें म्हळ्यार ताच्या नाकार एक वक्ल सदांच आसता. मदीं मदीं मागीर हो रागोबाय येवन बसता. मागीर तरूषाचे गाल जातात पुरयेभशेन फुलून गोल.

एडी अंकल तरूषाक सदांच चाळयता, म्हूण तरूष तागेर वचपाक बेजारता. हीं सगळीं भितर, हो मात भायर! कितलो वेळ रावतलो?

इतल्यान दारा खाचींतल्यान बटाटवडे आनी केकीचो घमघम सुटलो. वाऱ्यान ल्हवूच येवन तरूषाचे गाल पोशेत म्हळें, "चल रे भितर".

"ना वचचों" म्हणत तरूषान हाताची घडी केली. जिबेक लाळ सुटली. जळारां येवन कानाकडेन गुणगुणलीं.

"आयस्क्रीम आसाशी दिसता!"

"आसूं दी!" तरूषान नेटान म्हळें. पूण उतरांनी नेट नाशिल्लो.

इतल्यान एडी अंकलाचो उलो तरूषाच्या कानार पडलो.

"तरूष बेटा ऽऽ कमॉन!"

"यस् अंकल" म्हणत तरूष झुमझुमत भितर धांवलो. नाकावेलो रागोबा धुंवरा वरीं पयस पयस वचून नाच्च जालो.

ORLD KONKANI LIBRARY
Accn No: 000852

मोतयांची माळ

टप टप पावस पडटालो.

पडटां पडटां थांबलो.

पावसाच्या रागान किर्णां लिपिल्लीं कुपांआड. पावस गेलो आनी ल्हवूच किर्णां आयलीं भायर.

तांणी मोखली नदर तणाच्या पात्यार. लखलख! पात्यावेलो उदका थेंबो उजवाडांत लखलखलो. त्या लखलखत्या थेंब्याचेर नदर गेली धाकटुले बेबकेची. ती लागली रडूंक.

"आई, आई, म्हाकां गळ्यांत घालपाक मोतयांची माळ आत्तां जाय."

आई बेबकेक अजाप दिसलें. हें आनीक बाये कितें?

‘‘आगो, हांगा खंय गो बाये मोतयां? दर्यांत वचून हाडचीं पडटलीं.’’ आवयन ताका सांगलें.

‘‘ना, ना, दर्यांत वचपाची गरज ना. तीं पळय मोतयां. तणाचेर पिकल्यांत.’’ बोट दाखयत बेबकेन म्हळें.

आरे साऽऽऽयबा! आईन मनांतल्या मनांत कपलार हात मारलो. आता कितें करप? ते थेंब उदकाचे, तीं मोतयां न्हय! हें सांगल्यार तें आयकतलें? शे! तो ताचो सभावच न्ही.

फाल्यां हाडुंया म्हण सांगल्यार आयकत? छट्! व्हडा व्हडान रडटलें. आई चिंतूंक पडली. तिणें विचार कर कर केलो. इतल्यान लागींच आशिल्ल्या मक्यांच्या शेतांचेर तिची नदर गेली. मक्यांचीं ल्हान ल्हान बोंडां निकतीच लागिल्लीं. मक्याचे सुपुल्ले कण बरेऽऽ तकतकताले.

आई बेबकेन धुवेक म्हळें, ‘‘बाय तूं दाखयता तीं मोतयां पिकूंक नात. दुसऱ्या मोतयांची माळ करून दिवं?’’

शे! आवयन सांगिल्लें रोखडेंच धुवेन मानून घेतल्यार कशें जातलें?

‘‘ना, ना, म्हाका तणावेलींच मोतयां जाय.’’ धुवेन पांय आपटीत रडपाखातीर सूर लायलो.

‘‘बरें, बरें, तशें जाल्यार खुटून हाड मोतयां. हांव गुंथून दितां तुकां माळ.’’ आवयन गालांतल्या गालांत हांसत म्हळें. ‘‘पूण सांबाळून काड आं! तन्नी आसात तीं, फुटत.’’

‘‘ना आई, सवका खुट्टां हांव’’ म्हणून टुण्ण करून उडी मारून धूव बेबकी तणालागीं गेली. मोतयांक ताणें ल्हवूच हात लायलो.

जावपाचें तेंच जालें! उदका थेंब फुटलो. धूव बेबकी भिली. तिका रडूंक आयलें.

"आरे देवा, आई खरें सांगताली तर! आता तिका कितें सांगप?" धूव बेबकी दोन खीण वोगीच जाली.

हें सगळें नाटक आवय पयसुल्ल्यान पळयतालीच. धुवेन केल्लें येदेशें तोंड पळोवन आवयक तिची काकूळट आयली.

तिणें बेगी बेगीन मक्या बोंटांतले कण काडून वाली दोरार गुंथले आनी ल्हवूच फाटल्यान वचून धाकले बेबकेच्या गळ्यांत बांदले.

ती माळ पळोवन धूव बेबकी खूश! तें भुल्लुसलें, हांसलें, किटकिटलें, ताळयो मारपाक लागलें.

इतल्यान टपटप पावसान आपलें गाणें सुरू केलें. तणावेले मोतयां थेंब उदक जावन गळ्ळे. धाकले बेबकेचें थंय ध्यानच नासलें. ती पावसांत नाचपाक दंग आसली...

सोनाबाय

एक आसलें चली. ताचें नांव सोनाबाय. चार वर्सांचें, पूण सामकें मस्तें. कोंगऱ्या केसांचें, गुबगुबीत गालांचें आनी टुकटुकीत दोळ्यांचें.

दिवाळेचे दीस लागीं पावले म्हूण ताची आई लाडू करूंक रांदचेकुडींत बसली. सोनाबायक तिणें सांगलें, ''खेळणी घे आनी हांगाच खेळ. भायर वचनाका. मस्ती करनाका.''

सोनाबायन मान हालोवन सांगलें, 'बरे भशेन'.

आई गेली रांदचेकुडींत. सोनाबायन थारायलें, खेळचें वोगीच. पूण मस्तें तें मस्तेंच! ताका वोगी बसूंक जाता? थोड्या वेळान ताका आयलो वाज. ताणें ल्हवूच घरांतल्यान भायर कूस मारली आनी भायर मातयेंत खेळूंक लागलें.

इतल्यान आयली मळबांतल्यान एक घोण. घोणीक सोनाबायचे कोंगरे केंस आवडले. घोणीन सकयल झोंपय मारली आनी सोनाबायच्या केंसाक धरून वयर वयर उडली.

सोनाबाय बाबडें भिलें. मोठमोठ्यान रडूंक लागलें. ताचो रडपाचो आवाज आयकून घोण भिली. तिणें बेगीबेगीन सोनाबायक दिलें सोडून. मजगती सोनाबाय रडटालें तीं दुकां



धर्तरेर पडून
तांची जाल्ली न्हंय.
सोनाबाय ते न्हंयचे
उदकांत पडलें.
आतां कितें करतलें?
घराक डल्यान
कितलेशेंच पयस पाविल्लें
तें. आईचें आयकना जाल्यार
कशे त्रास जातात हें ताका
पटलें.
जाता तें जावं म्हूण त्या दुकांचे
न्हंयेंत सोनाबाय पेवपाक
लागलें. आनी अजाप म्हळ्यार
ती न्हंय व्हांवत व्हांवत
सोनाबायच्च्या दारांत पावली.
बेगीबेगीन सोनाबाय
न्हंयेंतल्यान भायर सरलें आनी
ल्हवूंच घरांत गेलें.

कुसकी आबोली

पोरसांतल्या आबोलेक कचकचून आबोलीं फुलिल्लीं. सगळीं फुलां हांसकुरीं, मस्करी करपी पोरां. वाऱ्यावांगडा धोलतालीं. भोवऱ्यावांगडा किटकिट्टालीं. दिसान दीस तीं सुंदर सोबीत जायत वतालीं.

पूण एके खांदयेवेलें आबोलें मात सामकें कुसकें! ताका कोणाकडेन उलोवंक नाका, कांय हांसूक नाका. वारो घश्टल्यार तें ताचेर तिडकतालें. भोंवऱ्याक पळोवन तोंड वाकडें करतालें. हें कुसकें आबोलें सदांच झेमेल्लें दिसतालें.

आबोले रोपाक आपल्या कुसक्या भुरग्याचें वागणें आवडनासलें. ताका कशें समजावचें तेंच कळनासलें.

सगळीं भुरगीं बरीं फुलतालीं, फळतालीं. हें मात तशेंच उरतलें ही चिंता रोपाक सतायताली. एक दीस अचकीत कुसकें आबोलें सुकलें आनी सकयल झडून पडलें.

कुसक्या आबोल्याक आपूण खंय पावलां तेंच कळना जालें. इतले दीस एकलें आसल्यारय ओंवतणी भोंवतणी हेर भावंडांचो कलकल आसतालो. कोणय नदरेक पडटालो.

आयज मात एकटेंच! बाबडें भिलें! आयज ताचे वाटेक वारोय ना आनी भोंवरोय ना. आवय मात बाबडी बागोवन बागोवन ताचेकडेन उलोवंक सोदताली. हेर भावंडां सदचेवरीं वाऱ्यावांगडा खेळटालीं.

कुसके आबोलेक रडूंक आयलें. इतल्यान थंयच मातयेंत आशिल्ले काळे कुळकुळीत इल्लेशे बियेन म्हळें, ''मावशे, कित्याक रडटा?''

अणवळखी आवाज आयकून कुसकी आबोली कांचवेली. मागीर मात्सो धीर आयलो. पयलेच खेप उलोवपाखातीर ताणें तोंड उगडलें, ''कोण गो तूं?''

''आंवांय, म्हाका वळखना? हांव 'बीं'. हें तें रोप आसा पळय, ताची नात. तुजे भयणीची 'धूव'. बियेन कुसके आबोलेक सांगलें.

''म्हळ्यार?'' आबोली घुस्पली.

''म्हळ्यार हांव सांगतां'' वाऱ्यान सकयल येयत कुसके आबोलेक म्हळें.

''सांग'' कुसके आबोलेन पयलेच खेप वाऱ्याकडे पळयत म्हळें.

''जाणा मुगो, हांव आनी भोंवरो वोगीच भोंवनात ह्या फुलांतल्यान त्या फुलाचेर!'' - वारो. ''तें खबर आसा म्हाकां.

तुमीं म्हौंवाक लागून येतात मरे?'' - कुसकी आबोली.

''इतलेंच न्हय गो आबोल्या, आमी दोगूय फुलाफुलांची इश्टागत घडयतात. एका फुलांतले पराग दुसऱ्या फुलांकडे व्हरतात. म्हळ्यार मनश्यांचे भाशेंत सांगपाचें जाल्यार आमीं फुलांचीं लग्नां लायतात. हाका लागून तीं आनीक फुलतात आनी मागीर तांकां भुरगीं जातात. ताकाच आमी फळ नाजाल्यार बीं म्हणटात.''



''म्हळ्यार हांव एकटेंच अशें गळून पडलां तर'' - कुसकें आबोलें.

''ना, ना, सगळीं फुलां बरीं फुलून जातकीर गळटात. पूण तांचे फाटल्यान तांचें कितें तरी उरता न्ही?''

इतल्यान भोंवरो थंय पावलो. ''कळ्ळें मगो आमचें म्हत्व? आतां राव थंय एकटेंच.'' अशें म्हणून तो घुंव घुंव करीत गेलो आनी वारोय गेलो. बियेन आपली तकली जमनीपोंदा रिगयली आनी कुसकी आबोली तशीच सुकून गेली.

बेबी हुमलीण

पणसाच्या रुखार, वेले वेले खांदयेर हुमलीणीचो घोंटेर आशिल्लो. बरो सोबीत इल्ल्या इल्ल्या पानांचो. जमनीवेले रोयणीपरस होच बंगलो बरो अशें हुमलीणीक दिसतालें.

हुमलो सकाळींच कामाक भायर सरिल्लो. तीय भायर सरपाची तयारी करताली.

‘‘काम ! काम ! काम !’’ बेबीन आई हुमलीणीक म्हणलें.

‘‘कित्याक वता गे कामाक? राव तूं घरा. आयज आमी मज्जा करूंया’’.

‘‘थोडेच दीस गो शाण्या, आतां पावस पडूंक लागलो काय रावता हांव घराच. ह्या दिसानी पावसाचो पुरूमेंत करून दवरूंक जाय न्हय?’’ हुमलीणीन धुवेक समजावपाचो यत्न केलो. तिकाय ताका घरा एकटें सोडून वचपाक बरें दिसनासलें.

‘‘बेबी तूं येता म्हजेवांगडा? हांव काम करतां. तूं खेळ’’. आवयन बेबीक सुचयलें. ‘‘पूण मस्ती करचेना मुगो? हांगा थंय नाचचें ना मुगो?’’

‘‘ना, ना, हांव सामकें शाणें शें थंय बसतलें. पूण मम्स, आयज खंय वता तूं कामाक?’’ बेबीन व्हडा उमेदीन विचारलें.

तें तीन जागे जाणा आसलें. बाप्पालें कँटीन, कामतीलो गुदांव आनी रायूबाबाली रांदचीकूड. ताका थंय वचपाक खूब आवडटालें.

‘‘आगो, आयज मातशें पयस वचूंक जाय. हांगच्यान पंचवीस

पावलांचेर व्हाळ आसा पळय? थंय ! काल खंय थंय पिकनिकेक भुरगीं आयिल्लीं. तीं खंय थंय खूब कितें साडून गेल्यांत'', हुमलीणीन सांगलें.

''पिकनिकेक भुरगीं आयिल्लीं? मागीर थंय पिज्जा आसतलो, चॉकलेटीय आसतल्यो. व्वा ! हय मम्स, हांव येतां'', नाचत नाचत बेबीन आवयक सांगलें.

''पूण मम्मा, चलून वचपाक पांय दुखतले''.

''आगो, कांय दुखना पांय. मुंयां जातीक चलपाची संवय आसूंकच जाय.'' हुमलीणीन सांगलें. भुरग्यांचे नसते लाड करप तिका पसंत नाशिल्लें.

''फकत आयजच गे मम्मा, प्लीज'' बेबी हुमलीण.

''बरें, बरें, कितें करप तें एकच दीस हां'' हुमलीणीन बेबीक सांगलें.

''पाख्या विमानान या गे. प्लीज! म्हाकां विमानान भोवपाक खूब आवडटा''. -बेबी

''विमानान? ना गो बाये. तीं पाख्या विमानां कितलीं म्हारग जाणां तूं? धा गुलाबांचें म्होव मागतलीं. इतलें म्होव ना म्हजे लागीं. कांय नाका विमान बिमान. चल, चलून या.'' हुमलीणीन बेबीक मात्सो आवाज चडोवन म्हणलें.

बेबी हुमलीण आवय फाटल्यान येदेंशें तोंड करून चलपाक

लागलें.

“सडसडीत चल. हांगा थंय पळोवं नाकां. पिझ्झा जाय मुगो?” हुमलीणीन बेबीक पिझ्झाचें हांयस दाखयलें.

मान हालयत बेबी चलपाक लागलें. आवय फुडें, तें फांटीं. चलतां चलतां बेबीची नदर एके पालीच्या पोल तांतयाचेर पडली. निकतेंच पोर जल्मून कल्ल थंय पडिल्लें दिसता. आहा ! हातूंत बसून गडगडत गेल्यार? कितली मजा येतली न्हय? मम्मीच्या पयली हांव पावतलें”. बेबी हुमलीणीन विचार केलो.

बेबीच्या मनांतलें बाबडे हुमलीणीक कांयच खबर नासलें. ती फुडें चलताली. बेबी हुमलीण खिणभर एका जाग्यार वोगीच रावलें. मागीर पोल तातयालागीं गेलें आनी ल्हवूच तातूंत भितर सरलें.

तें कल्लांत भितर सरनाका, ताणें येवजिल्लें तशें जालें. कल्ल ताका घेवन गडगडत फुडें वचपाक लागलें. पूण सामके उरफाटे दिकेक.

मम्मा वताली व्हाळा वटेन तर बेबीचें तांतें गडगडलें बाप्पाल्या कँटिना वटेन. बेबी हुमलीण भियेलें, पूण थोडोच वेळ. गडगड करत वतना ताका मजा दिसूंक लागली. तांतें गडगडत गडगडत गेलें आनी एका फातराकडे येवन रावलें. बेबी कल्लांतल्यान सकयल देंवलें. कोणाच्यातरी घराच्या पांखाट्याकडे तें पाविल्लें.

आतां कितें करतलें?

मम्मा गेल्या थंय कशीय तरी वाट सोदून काडचीच पडटली. बेबीन हेवटेन तेवटेन पळयलें. इतल्यान ताची नदर एका मावलेच्या जाळार पडली. मावली घरा नाशिल्ली. पूण तिच्या जाळांत एक ल्हानसो फुलपाखो अडकल्लो. तो आपल्याक सोडोवन घेवपाचो यत्न

करतालो. ताची ताका काकूट आयली. ताणें म्हळें, "फुलपाकुल्या, भिनाका. हांव तुकां सोडयतां".

"कशें सोडयतलें तूं म्हाकां? आता आनी म्हजी सुटका ना. घरच्यांचें आयकनासतना आयलें आनी त्रासांत पडलें. म्हाका आईन शिटकायल्लें ह्या भुतबंगल्याकडे वचनाका म्हुणून. हांगा मावल्यांचीं घरां आनी कांट्यांचीं झाडां आसतात म्हणून" रडत रडत फुलपाकुल्यान सांगलें.

"रडनाका पाख्या, कितें तरी उपाय मेळटलो", बेबीन पाख्याक समजावपाचो यत्न केलो. एका कांट्याच्या झाडार चडून ताची खांदी मावलेच्या जाळार बागोवपाचो प्रयत्न केलो.

तें जाळ आपूण कशें तरी तोडटलेंच आनी पाकुल्याक संकटांतल्यान भायर काडटलेंच अशें बेबी येवजितालें. इतल्यान काळिकीट्ट मावली आयली. पाकुल्यान भिवन दोळे बंद करून घेतले. बेबी हुमलीणीचेर आकांत आयलो. पूण मम्मान सांगिल्ली गजाल ताका याद जाली. संकटांत सापडल्यार भिवप ना, गडबडप ना. विचार करप ! हुमलीणीन आपल्या कपलार मारत आपल्याकच म्हळें "कर, कर, विचार कर" आनी चक्क करून तिचे तकलेंत एक येवजण आयली.

‘‘मावली मावशे, मावली मावशे’’ बेबीन मावली मावशेक साद घालो.

‘‘कोण गो म्हाका उलो करता?’’ किरकिऱ्या आवाजांत ते काळेकिट्ट मावलेन हुमलीणीक विचारलें. तिचे तांबडेगुंज दोळे पळोवन बेबी हुमलीणीक सोमतेंच मुतूंक तेकलें. पूण ताणें धीर एकठांवन म्हळें, ‘‘मावली मावशे, मावली मावशे, हांव वाट शेणलां. म्हाका मातशी वाट दाखय’’.

‘‘वाट? खंयची वाट? म्हाका आतां वेळ ना. म्हजो जेवणाचो वेळ जाला’’. म्हणत गडबडीन मावली आपले घरांत भितर सरपाक लागली.

बेबीचेर आकांत. पाकुल्यान तर जिवाची आशाच सोडिल्ली.

‘‘मावली मावशे, दाखय गे म्हाका वाट. हांगा आतां खंय मनशां येवपाचीं आसात, हें घर निवळ करपाक . भोवतणचो वाठार निवळ करपाक, हांगचीं झाडां मारपाक. तेंचें पायां पोंदा पडटलें मगे हांव’’. बेबी हुमलीणीन परत मावले मावशेक काकुळटेक येयत म्हणलें.

मावली मावशी कांचवेली. ‘‘कितें मनशां येतात? कोणें सांगलें तुकां?’’ मावलेन विचारलें.

‘‘कोणें सांगूंक ना. पालमावशी आपल्या भुरग्यांक सांगताना आयकल्लें हांवें. ती आपल्या निकत्याच जल्मल्ल्या पोरांक घेवन हांगच्यान धांवल्या. हें पळय तिच्या ततयाचें कल्ल’’. बेबीन मावलेक पोल कल्ल दाखयलें.

‘‘अशें?’’ तशें जाल्यार हांवेंय पळ काडल्यार बरो’’ मावली मावशेन मनांत येवजिलें. ती बेबीक कांयच सांगनासतना तुरूतुरू करून

थंयच्च्यान धांवली.

ती वता तें पळोवन पाकुल्यान सुटकेचो सुस्कार सोडलो. पूण बेबी मात् चिंतेस्त! पाकुल्याक जाळांतल्यान कशें सोडोवप?

इतल्यान वोंचों वोंचों करून खंयच्च्यान तरी धुकर येतालो. बेबीन ताका पळयलें आनी तिका दिसलें, धुकरभावाक सांगचें मदत कर म्हुणून.

तिणें ताका पळयत म्हळें, 'धुकर भावा, कसो आसा तूं?'

आब्बा ! हो आनी खंयचो आवाज म्हाका भाव म्हणपी? धुकराक खरेंच अजाप जालें. ताणे आवाजाचे दिकेन पळयलें, जाल्यार इल्लिशी पिटकुली हुमलीण.

''कितें गो? खंयचें गो तूं? हां'' धुकरभावान आपल्या घोगऱ्या आवाजान विचारलें. ''धुकरभावा, तूं म्हाका वळखना? हांव मरे बेबी. मम्मा हुमलीणीची धूव. हांव मरे वाट चुकलां. म्हजी मरे मम्मा शेणल्या. म्हाका मरे तिचेकडे पावोवपाचे उतर हे त्या पाकुल्यान दिलां. पूण तें मरे त्या मावलेच्या जाळांत आडकलां. ताका तुजे सोंडेन मात्सो सोडय, प्लीज.... म्हाका मरे व्हाळाकडेन वचूंक जाय. थंय खंय खूब पिझ्झा आसात'' बेबीन दोळे पिटपिटायत म्हळें.

दुकरभावाक ताची अपुरबाय दिसली. तशेंच पिझ्झाचें नांव आयकून तोंडाक उदक सुटलें. आनी व्हाळाकडेन पिझ्झा मेळना जाल्यार आनी कितेंय मेळटलें. हो व्हाळ खंय आसा काय?

‘‘बरें, बरें सोडयतां पाकुल्याक’’. धुकरभावान आपले कुले हालयत म्हळें ‘‘पूण म्हाका व्हरतात मुगो व्हाळाकडेन?’’

‘‘हय तर!’’ बेबी आनी पाकुल्यान वांगडाच म्हळें.

धुकरभावान अश्शी आपली सोंड जाळावेल्यान फिरयली आनी जाळ तुटलें. पाकुल्याची सुटका जाली.

पाकुल्यान आपले फाटीर बेबीक बसयलें आनी ती उडत गेली व्हाळाकडेन. तांचेफाटल्यान धुकरभावय धांवलो.

व्हाळाकडेन पावतकीर बेबीन पयली नदर मारली ती आपले आवयक सोदूंक. जाल्यार बाबडी आई हुमलीण दुकां गळयत आपले इश्टिणीक कितें तरी सांगताली.

‘‘मम्स’’ बेबीन मोठ्यान उलो मारलो.

‘‘बेबी!’’ हुमलीण रडपाचें विसरली. ‘‘खंय गेल्लें तूं? आं? तुकां सोदून सोदून नाका पुरो जालें म्हाकां. काळे हुमलेन तुकां सोदूंक पुलिसांक धाडलां,’ हुमलीणीन रागार जातनाच बेबीक वेंगायत म्हळें.

पाकुल्यान बेगीबेगीन कितें घडलें तें हुमलीणीक सांगलें. ‘‘राव, हांव वचून पुलीसमामाक कितें जालें तें सांगतां. तुमी करात तुमचें काम’’. पाकुल्यान म्हळें.

हुमलीणीन दोळे पुसले. बेबीचो हात धरून चॉकलेटीच्या राशीकडेन ती गेली.

व्हाळाकडेन धुकरभावाक ताका जाय आशिल्लें तें मेळ्ळें. तो वोंचों वोंचों करून खावपांत गुल्ल जाल्लो...

हर्बी

आनी

ह्युबर्ट

जादवाची गाडी

ह्युबर्टाक गाडयेचें पिशें. सगळ्या तरांच्या गाडयांचीं नांवां ताका तोंडपाठ. ताका सदांच गाडयांचीं सपनां पडप. एक दीस कितें जालें जाणां! ह्युबर्टाचें सपन खरें जालें. ताचें जालें अशें....

ह्युबर्टाचो बारावो वाडदीस. सकाळीं सगळ्यांनीं ताका वाडदिसाचीं परबी दिलीं. पूण प्रॅझेंट...? कोणेच दिलें ना. ह्युबर्ट तसो सादो - भोळो. ताणें मनाक लावन घेतलें ना.

ह्युबर्ट न्हावन धुवन नवे ताल्ल कपडे घालून मिसाक वचपाक भायर सरलो आनी ताची नदर मुखार गेली. ताचें तोंड अजापान उक्तेंच उरलें... दारांत नवी ताल्ल धाकटुली, चॉकलेटी रंगाची, दोन मनशां बसपायेदी गाडी उबी.

ह्युबर्टाक ती गाडी सामकी मानवली. तो तनरेंत आशिल्ले वरी ते गाडये म्हऱ्यांत गेलो आनी ताचे नदरेक ते गाडयेर दसयल्ली एक चीट दिश्टी पडली.......

''ही आसा जादवा गाडी

इटकुली - पिटकुली

तांबडो बटन दामशी

ती सुरू जातली

पांचवो बटन दामशी

जाल्यारच ती थांबतली."

मायेमोगान

हुयबर्टाक

मम्मी, पप्पा आनी घरच्च्यांकडल्यान.

जादवा गाडी? म्हाका? ह्युबर्टाक खूब खोस जाली. पूण जादवा गाडी म्हळ्यार? आपोआप सुरू जावपी गाडी. पापान ह्युबर्टाक गाडयेंत बसयलो. दोगूय झेतान फिरून आयले.

गाडयेचें नांव दवल्लें 'हर्बी'.

ह्युबर्टाक हर्बी मानवली आनी हर्बीक ह्युबर्ट. पयल्याच दिसा सावन तांची इश्टागत घट्ट जमली.

ह्युबर्ट वता गरोवंक

मे म्हयनो. गरमेचे दीस. शाळेक सुटी. कितें करप? ह्युबर्टाक आयलो वाज. खेळूंक कोणूच ना. इश्ट गेलो हांगा-थंय फेरयादींत हेडूंक. टी.वी. म्हणून कितलो पळोवप? ताका दिसलें, गरोवपाक वच्चें. मम्माकडल्यान परवानगी घेवन तो गरोवंक भायर सरलो.

गरी, तांस, बारीक सुंगटां (हांयस) आनी एक ल्हानशी कपड्यांची पोती घेवन ह्युबर्ट भायर सरलो. ताची हर्बी गाडी गॅरेजींत उबी आशिल्ली. ताणें फाटलें दार उगडून सगलें सामान फाटल्यान दवरलें. गाडयेंत बसून ओर्रान तांबडो बटन दामलो. हर्बी चुंय ऽऽ करून न्हंये वटेन धावंक लागली. न्हंयेलागीं पावतकीर ह्युबर्टान एक देवणी पळोवन, कुशीक हर्बीक थांबयली.

ह्युबर्टान सगलें सामान काडलें. बरो जागो सोदलो. सामान कुशीक दवरून, एका फातरार बसकण मारली. कुसाक

हांयस लायलें आनी उदकांत सोडलें.

धा मिणटां जालीं ... वीस मिण्टां जालीं ... टुक्! गरवणेचो तांवस एकदम तायट आनी जड जालो. फटकन् ह्युबर्टान गरी वयर काडली. नुस्तें हातांत धरलें, कुसाचें काडलें आनी पोतयेंत उडयलें. पोतयेचें तोंड गांठ मारून बंद केलें.

हांयस् लावन गरी परत उदकांत उडयली. आतां मात् वाट पळोवची पडलीना. टुक्! आनीक एक नुस्तें लागलें. टुक् ! आनीक .....

ह्युबर्ट आपलेच तनरेंत गरयत

आशिल्लो. थंयच कांय मस्ते भुरगे ह्युबर्टाचे हे कश्ट पळयताले. ह्युबर्टाक त्रास

दिवपाचें ताणीं थारायलें. ल्हव पावलांनी ते ताज्या फाटल्यान गेले. नुस्तें चोरून व्हरपाची तांची येवजण आसुंये.

पूण पोतयेचें तोंड उगडनाफुडें टुक् ! टुक् ! पिट्ट! सगलें नुस्तें उदकांत उडी मारून गेलें.

हयुबर्टाक हातुंतलें कांयच खबर नाशिल्लें. तो आपणांतूच गुल्ल जांवन गरयतालो.

पूण हर्बी हें सगलें पळयताली. तिका त्या भुरग्यांचो राग आयलो. देंवणेर आशिल्ली हर्बी आपले आपूण फुडें फुडें आयली आनी तांच्या कुल्यांचेर धप्प् ! धप्प् ! करून धक्के दिले.

ओय् ! ओय् ! जिवाच्या आकांतान ते किलांटले. तेन्ना हयुबर्टाचें लक्षं फाटल्यान गेलें.

ताणें बेगीबेगीन उठून हर्बीक वोगी केली. हर्बीच्या मस्तेपणाखातीर भुरग्यांकडेन चूक मागूंक तकली वयर केली जाल्यार ते खंय? तांणी भिवन फुज्जो काडिल्ली.

खरें कितें घडलां हें ह्युबर्टाक खंय खबर? ताणें हर्बीक बरीच तापयली. हर्बी बाबडी मोन्यांनी दुकां गळोवंक लागली. ह्युबर्ट रागान सामान गुठलावंक गेलो जाल्यार नुस्त्याची पोती साप्प रिती.

खरें कितें जालां तें कळपाक ह्युबर्टाक कळाव लागलो ना.

ते भुरगे भिवन कित्याक धांवले तें ताच्या लक्षांत आयलें. हर्बीचीं शिटुकपणांय लक्षांत आयलीं.

'म्हजी चूक जाली, म्हाका भोगशी' म्हूण सांगपाक गेल्यार हर्बी रागार-फुगार जावन बसल्या.

ह्युबर्टानय गाल फुगयले आनी म्हळें,

"रागार गे फुगार
हर्बीक दिली कातली
तीं फिस्स् करून हांसली"

अशें म्हणून आपल्याच फुगयल्या गालार दोनाय वटेन बोटां तोपलीं. हर्बी खरें फिस्स् करून हांसली आनी तीं घरा परतलीं.

हर्बी धरता चोरांक

गीम केन्ना सोंपता हाची वाट लोक आशेन पळयताले. गर्मी इतली जाताली की रातच्यो पसून घामाचो पांवळ्यो आंगावेल्यान देंवताल्यो. फॅनाच्या वाऱ्यान तर आनीक गरम जातालें. देखून ह्युबर्टागेर रातचीं जनेलां सामकीं उक्तीं दवरून न्हिदतालीं.

चोरांक ही खबर कोणेतरी सांगल्या जावंये. एके रातीं ते ल्हवूच आवाज करिनास्तना हयुबर्टाच्या घरांत घुसले. सगल्या तरांचीं कुलपां उगडपी 'मास्टर की' तांचेकडेन आशिल्ली. तिचो वापर करून ताणी घरांतलें कपाट उगडलें. पयशें, भांगरा वस्ती, बरे बरे कपडे एकठांय करून ते त्याच जनेलांतल्यान सकयल देंवले.

ते घरांत चडटनाच हर्बीन तांकां पळयल्लें. पूण तिचो ताळो बशिल्ल्यान, ती हॉर्न मारून घरच्यांक उठोवंक शकली ना. खरें म्हळ्यार तांबडो बटन दामल्यार ती सुरू जाताली. पूण हालींसराक ती आपले आपुणूच चलूंक शिकिल्ली. तिणे चोरांक वयर वतना पळयलें. तिणें मनांतल्या मनांत येवजण आंखली. जनेलापोंदा येवन उबी रावली.

चोर सकयल देंवले मात, तांका 'हर्बी' दिसली! बरें ऽऽऽ जालें ! ही गाडीय फारावपाचें ताणी थारायलें.

व्हडल्या चोरांकआपले मास्टर कीन गाडी सुरू जातली असो भरवंसो आशिल्लो. दोगय चोर गाडयेंत बसले. व्हडल्या चोरान मास्टर की भायर काडली आनी इतल्यांत...

हर्बीन चलपाक सुरवात केली. पयलीं चोरांच्या लक्षांत ही गजाल आयली ना. तांकां दिसलें देंवणेर गाडी देंवता आसतली. व्हडल्या चोरान हॅन्डब्रेकाक हात घालो. तरीय गाडी थांबना. आता मात दोगूय भिले. ही कसली भुताटकी? तांकां कांयच सुचना जालें.

हर्बी मात तांकां खोशयेन फोंडांतल्यान, स्पीड ब्रेकरावेल्यान धोडायत धोडायत घेवन वताली. मदींच वोल्त लागलें. हर्बी सामकें वाकडें जालें. भिवन धाकट्या चोरांची चड्डीच ओली जाली.

शी ! शी ! बुरशे आनी भिवकुटे खंयचे! हर्बीन मनांत म्हळें.

हर्बीन तांका शारभर भोंवडाय भोंवडाय भोंवडायलें. चोरांनी

''देवा तू पाव'' म्हणत दोळे घट्ट धापून घेतले. व्हडल्या चोरान गाडयेक हांगा थंय हात लावन तिका थांबोवपाचो यत्न केलो. निमणे दीस उजवाडलो आनी तांकां घेवन हर्बी सरळ पुलिस स्टेशनार गेली.

ते बाबडें भियेल्ले चोर मेल्ले भशेन जावन सरळ हवालदारा सामकार गेले. तांणी आपलो गुन्यांव मान्य केलो. तांणी सगलो चोरयेचो म्हाल हवालदाराचे सुवादीन केलो.

पुलिस चौकेवेलो हवालदार ह्युबर्टाच्या पप्पाक वळखतालो. ताणें तांच्या घरा फोन केलो. हर्बी रातभराचे धांवपळीन आनी जागरणान जाम जाल्ली. पुलीस चौकेमुखारच तिका न्हीद लागली. ह्युबर्ट आनी पप्पा ताका व्हरूंक आयले तेन्ना ती मस्तपैकीं घोरेताली. दोगांयनी हालोवन हालोवन तिका जाग हाडली. मागीर मात तिची सगल्यांनी इतली तोखणाय केली, इतली तोखणाय केली कीं खोशयेन बशिल्ल्या ताळयानच ती पों ... पों ... पों ... करीत सुटली.

हर्बी वता फॅस्ताक

पावस पडटालो. तरीय लोक चोम्या-चोम्यांनी पुरूमेंताच्या फेस्ताक वताले. जनेलांतल्यान ह्युबर्टाक भुरगीं बोमाडे, खेळणीं, खाजें, लाडवां पोटल्यो घेवन वतना दिसतालीं. तांकां पळोवन ह्युबर्टाकय फेस्ताक वचपाची उमेद आयली.

दनपारचो वेळ. मम्मा जेवन-खावन आड पडिल्ली. आजीय घरांत नाशिल्ली. तोच वेळ सादून अर्द वराभितर फेस्ताचे फेरयेची भोंवडी करपाचें ह्युबर्टान थारायलें.

तो ल्हवूच भायर सरलो. हर्बी म्हऱ्यांत गेलो. ताका आपली येवजण सांगली. हर्बी भुल्लुसली. ह्युबर्ट गाडयेंत बसला मात, फुर्र करून भायर सरली.

ताचे खातीर पावस नवो आशिल्लो. नवे ताल्ल कपडे घालून वचपी लोक नवे, सगळी कितें मजाच मज्जा. सगल्यांचेर फिर्र करून उदक शिंपडायत हर्बी वताली. तशें करूं नाका म्हुण ह्युबर्टान ताका शिटकायलें. पूण हर्बी खंय आयकता?

पिंक पॉक. आमी वोयता फॅस्ताक. पिंक पॉक ... पिंक पॉक.

ह्युबर्टाकय एके वटेन मजा येताली. एके वटेन भंयूय दिसतालो. लोकांचेर घाण उदक उडोवप, मोठ्या मोठ्यान हॉर्न वाजोवप हें समा न्हय. ते खातीर दंड पडूं येता हेंवूंय ह्युबर्टाक खबर आशिल्लें. पूण हर्बीक सांगतलो कोण? तिच्या कानांत वारो भरिल्लो. पाडकाभशेन ......

ह्युबर्ट फॅस्ताचे फेरयेकडेन पावलो. गाडयो दवरपाक केल्ल्या जाग्यार ह्युबर्टान हर्बीक दवरली. आपूण फेरयेंत गेलो. तो मेरेन पावस थांबिल्लो. ती गर्दी, पीं ऽऽ पाँ ऽऽ, बोमाडे ऽऽ बोमाडे ऽऽ चो आवाज, भज्यांचो - च्यावेचो वास, आ... हा... हर्बीच्यान सोसूंक नजो जालें. ताका दिसलें, आपणेय वच्चें फेरयेंत आनी सगळें पळोवचें. ताणें ल्हवू ल्हवू चलपाक सुरवात केली.

पूण हर्बी गर्देंत घुसलें मातू, लोकांच्यो बोबो. लोकांक दिसलें, कोणतरी बेबदो वा पिसो ड्रायवर आपली गाडी घेवन गर्देंत घुसला. येरादारी पुलीस पीं.. पीं.. पीं.. करीत शिटी मारीत आयलो. पूण ड्रायव्हर



नाशिल्ली गाडी पळोवंन भू...भू...भू...त... करीत घुंवळ येवन पडलो. जाऽऽलें. लोक आनीकय भिले. ते जळींमळीं धावंक लागले.

लोक धावता तें ह्युबर्टाक दिसतालें. पूण कितें जालां तें कळ्ळेंना. ताका दिसलें, खंयतरी, कितेंतरी जालां सेर्त. कितें काय पळोवंक तो फुडें येवंक लागलो. ताचे नदरेक धोलत धोलत येवपी हर्बी पडली आनी ह्युबर्टान कपलार हात मारून घेतलो.

ह्युबर्ट बेगीबेगीं हर्बी म्हऱ्यांत गेलो आनी आपूण भितर बसलो. ताणे हर्बीक घुंवडायलें आनी गर्देंतल्यान भायर काडलें.

ताका खबर आशिल्लें, आतां घरा धडगत ना. कितें करप? तो येवजूंक पडलो.

इतले मजगतीं पुलीसमामा सुद्दीर आयलो. ह्युबर्टान ताका सगळी गजाल सांगली. तो पुलीसमामा मायेस्त आशिल्लो. फुडले फावट असलीं पिशेपणां करूं नाकात अशी शिटकावणी दिवन तांकां घरा धाडलो.

हर्बी-ह्युबर्ट वोग्गी घरा परतलीं. हर्बीक आपली चूक समजून आयली आनी अशें परत केन्नाच करप ना अशें ताणें मनांत थारायलें.

हर्बी घर सोडटा...

फॅस्ताचे फेरयेचो प्रसंग घरा कळ्ळो. घरच्यांनी हर्बी आनी ह्युबर्टाक खूबच तापयलो. आज्जेन तर सरळ हर्बीक दुशण दिलें. ह्युबर्टासारक्या बऱ्या भुरग्याक आपल्या नादाक लायलो म्हळें. ह्युबर्ट सगलें मोन्यांनी आयकून घेतालो.

हर्बीच्या कानारय घरातलीं उतरां पडटालीं. तिका आज्जेचें

उतर खूबच लागलें. तिणे खूब विचार केलो. आपणाक लागून ह्युबर्टाची वाट लागता जाल्यार आपणे कित्याक ह्या घरांत रावप? तेपरस आपणे घर सोडप योग्य अशें येवजून ती रात जावपाची वाट पळोवंक लागली.

सुर्य अस्तमतेक गेलो. रात जाली. घरांत सगल्यांचीं जेवणां-खाणां जालीं. आयज ह्युबर्टाक तापोवणीं पडिल्लीं म्हण्टकीर तोवूय ओग्गी आशिल्लो. पिंटू आनी ह्युबर्ट दोगांय न्हिदूंक गेलीं. व्हडलीं टी.वी. पळोवंक बसलीं. हीच संद घेवन हर्बी ल्हवू ल्हवू गॅरेजींतल्यान भायर सरली. दुकां गळयत गळयत, ल्हवू ल्हवू हर्बी घराकडल्यान पयस पयस चलत गेली. खंय वतली, कितें करतली, हें तिणें कांयच थारावंक नाशिल्लें. ती आपलेंच तनरेंत वताली.

वतां वतां ती खांडेपारा पावली. थंयच्यान लागींच बोंडला. तिणें थारायलें, बोंडलाच्या रानांत वचून रावपाचें. बरीच वाट चलिल्ल्यान हर्बीचे पांय थकले. बोंडलाचे चडटेर टायरांतलो वारो गेलो आनी ती फाटलेवटेन देंवपाक लागली. हर्बीचेर आकांत...! तिणें मोठ्ठ्यान पिक् .. पिक् .. पिक् .. करून आड्डी मारली!

"वाचयात, वाचयात". फाटल्यान लिपून बशिल्ल्या ह्युबर्टान आकांत केलो. हय व्हय! ह्युबर्ट फाटल्यान आशिल्लो. ताणें हर्बीक गॅरेजींतल्यान भायर सरतना पळयिल्लो. तेन्ना तो ल्हवूच येवन फाटल्या सिटार बशिल्लो. दुखेस्त आनी आपल्याच तनरेंत

आशिल्ल्या हर्बीक ह्युबर्टाची सुलूस लागूंक नाशिल्ली.

ताचो आवाज आयकून मात हर्बीच्या जीवांत जीव आयलो.

रातचो वेळ. त्या रानांत ह्या वेळार आकांताक कोण पावतलो? पूण हर्बी-ह्युबर्टाचें नशीब बरें आशिल्लें. थंय लागींच राधा-राजा हें हतयांचें जोडपें आशिल्लें. तांणी हर्बी-ह्युबर्टाचो आकांत आयकलो आनी दोगांय धांवन आयलीं. हर्बीक आडावन धरलें. हर्बी-ह्युबर्टाक सूऽऽऽ जालें.

थोड्या वेळान हर्बीचो कलकल थांबतकीर राजा हतयान सोंडयेन धरून ओडीत हर्बीक लागीच्या पॅट्रॉल पंपार पावयलें. थंयच कुशीक टायराचें पंक्चर काडपाचें दुकान आसलें.

दोगूय हतयांचे उपकार मानून ह्युबर्ट हर्बीचो पंक्चर टायर सारको करून घेतलो आनी दोगांय घरा येवंक परतलीं. तशींच.

काळकांत.

घरा पावता म्हणसर फांतोड जाल्ली. ह्युबर्टान सालांतल्या घडयाळाचेर नदर मारली. सकाळचीं स वरां जाल्लीं. ह्युबर्ट आपले स्वताचे कुडींत न्हिदतालो. म्हणटकीर हर्बी-ह्युबर्ट रातभर नात हें घरांत कोणाकच कळ्ळें ना.

पूण तरिकय ह्युबर्टान घरा पावना फुडें सगली गजाल घरच्च्यांक सांगली आनी तांची माफी मागली. आज्जी धरून सगळीं तोंड आं करून आयकतच उरलीं. कोणेच कांय म्हळें ना.

हे वटेन हर्बी रडूंक लागली. तिका आपणें केल्ली चूक कळ्ळी. पप्पान तिचे फाटीर मायेन हात भोंवडांवन म्हळें, 'पिशें गो पिशें, घरच्यानीं उलयल्यार घर सोडून वचप? तूं आमची मगे. सुदारपाखातीर आपल्या लागींच्यांक तापयतात. हो राग खरो आसना. हाचेमुखार असलीं पिशेपणां करप ना, कळ्ळें?'

पीक् .. पीक् ..

हर्बी ''हय'' ''हय'' म्हणटालें जावंये.

चॉको गोगो

परिक्षा सोंपली आनी सगळ्या भुरग्यांक सामकें मेकळें मेकळें दिसलें. गौतमीक तर सगळ्यां बावल्यांक फ्रॉक शिवंक जाय आशिल्ले. तें बेगीबेगीन सगळ्या बावल्यांचें जॉख घेतालें.

इतल्यान कार्तिक भायल्यान धांवत आयलो. 'दिदी, दिदी, हांगा यो कितें दाखयतां'', कार्तिकान ल्हव आवाजांत सांगलें.

''हांव येना. म्हाका एप्रिल फूल करूंक सोदता? म्हाका कबिरान आनी वेदान एक फावट फटयला तें पुरो. चड जाता तुमचें. म्हज्याच

फाटल्यान कित्याक लागल्यात तुमी?'' गौतमी तणतणलें.

''दिदी, भायर पार्काकडेन दोन ल्हान कुतूचीं पिलां आसात. यो बेगीन यो''. कार्तिकाक खरें म्हळ्यार एप्रिल फूलाचें पडूनच वचूंक नाशिल्लें.

खिणभर गौतमीचे दोळे चकचकले. पूण फटयत जाल्यार?

'खरें सांगता मरे? फकाणां केल्यार मारतलें हांव तुका!'' गौतमीन कार्तिकाक धमकायलें.

'दिदी, प्रॉमिस. बरे कुतू आसात. यो दाखयतां. चल तांकां आमी घरांत हाडुंया. बेगीन यो. प्रदीप आयल्यार तो व्हरतलो'', कार्तिकान आपले गडबडीचें कारण सांगलें.

गौतमीन आपलीं सगळीं 'भुरगीं' थंयच आपटिलीं आनी ल्हवू दार काडून कार्तिका फाटल्यान धावलें. दनपारचो वेळ. घरांतलीं व्हडलीं सगळीं आड पडिल्लीं.

गौतमी आनी कार्तिक त्या पिलां म्हऱ्यांत पावलीं.

वाव्व, कितलीं-सुंदर पिलां. एकटो कुतू काळो काळो, गुबगुबीत तर दुसरो चॉकलेटी आंगाचो. चू... चू... कू... कू... करीत दोगांय पिलां एकमेकाचेर चडटालीं.

'कार्तिक, चल उखल बेग्गीन. दोगांकय घरांत व्हरया' गौतमीन कार्तिकाक सांगलें.

'दिदी, मम्मा कुतूक घरांत घेवंक दिवची ना. तिणें पयलींच सांगलां. फ्लॅटांत कुतू नाका म्हणून'. कार्तिकाक दिदी इतलीच कुतूक घरा व्हरपाची उमेद आशिल्ली. पूण ताका परिस्थितीचें भानय आशिल्लें.

'हूं, ती तशीच! तिचें घर केन्ना जातलें आनी आमी कुतू केन्ना पोसतलीं?' गौतमीक ह्या सगळ्या व्हडल्यांचो रागच येतालो. मम्मा म्हणटाली, णव-धा वर्साच्या भुरग्यांक खंय राग येताच. पूण गौतमीक दिसतालें की ह्या जाणट्यांखातीरच आपल्याक चड राग येता!

गौतमी आनी कार्तिकाक जनावरां म्हळ्यार जालीं. तें मागीर मांजर आसूं, सोसो आसूं वा कुतू. ताच्या पप्पाक आनी आत्येकय जनावरांचें पिशें. मम्मा आनी आई, तांकांय जनावरां आवडटालीं. पूण फ्लॅटांत न्ही खंय! व्हडलीं हीं!

आतां कितें करप? वेद दवरतलो काय कुतू आपल्यागेर? वेदाचो आनी कार्तिकाचो फ्लॅट आमने सामने. तांगेरय कुतू दवरल्यार मात्शें तरी खेळूंक मेळटलें तांचे वांगडा. कार्तिकान धांवत वचून वेदाक आपयलें.

'दद्दू, आमी व्हरया रे ह्या कुतूक तुमगेर' कार्तिकान ताका विचारलें.

वेदान काळ्या कुतूक उबारलो. गौतमीन ताच्या चॉकलेटी आंगार मायेन हात भोंवडायत म्हळें, 'ह्या चॉकलेटी कुतूक चॉको म्हणया आनी हाका गोगो'. वेदान काळ्या पिलूक पोशेयत म्हळें,

‘पूण गौतमी, दॅर इज ए प्रॉब्लॅम. म्हजी आई आनी बाबा कुतूक घरांत घेवंचीं नात. कितें करूंया?’

असल्या वेळार कार्तिक म्हण्टा ती सामकी ‘थिंक टँक!’ ’आमी म्हज्या पप्पाक सांगुया’ अशें म्हणत कार्तिकान धांवत वचून ल्हवूच पप्पाक उठयलो. मम्मा बाथरूमांत गेल्ली. म्हण्टकीच ल्हवू आवाजान कार्तिकान पप्पाक सगळें सांगलें. पप्पा तोंडांत घोट घेवन तसोच भायर सरलो.

धुवेचे आनी पुताचे जितले दोळे चकचकले ना तितले पप्पाचे चकचकले. ‘बरे मरे कुतू! हय, हय व्हरूंया आमी तांकां भितर’ पप्पान सांगलें.

‘पूण पप्पा, मम्मा परमिशन दिवची ना’ गौतमीन म्हळें.

‘राव, आमी अशें करूया, मम्मा आतां नायट शिफ्टीक आसा. ती ऑफिसांत गेली काय आमी तांकां घरांत व्हरून आईचे कुडींत लिपोवया’ ‘थिंक टँक’ कार्तिकान परत आपली आनी एक कल्पना सगळ्यां मुखार मांडली. सगळ्यांक ही कल्पना मानवली. पप्पान ‘गो अहेड’ शिनाल दिलें.

जालें. सगळ्यांची नदर आतां मम्मा केन्ना भायर सरता ताचेर. निमणे एकदांची मम्मान स्कुटर स्टार्ट मारली. भुरग्यांनीं उमेदीन ‘बाय मम्मा’ म्हळें. वेदय सामको उमेदीन काकीक ‘बाय’ म्हणपाक भायर आयिल्लो. मम्माक हें सगळें विचित्र दिसलें. पूण सुटयेचे खोशयेन हीं सगळीं उमेदीन आसात अशें मनांत चितत मम्मा स्कुटरीवेल्यान भुर करून गेली.

चॉको आनी गोगो घरांत पावले. आई हरशींय मोव काळजाची.

सगळ्या भुरग्यांच्या आगऱ्याक लागून तिवय 'चॉको-गोगो' येवजणेंत सामील जाली.

अकरांक मम्मा काम सोपोवन घरा आयल्यार घरांत आवाज ना. टी. वी. बंद. गौतमी आईचे कुडींत. कार्तिक आनी वेद पुस्तक घेवन वाचतात. इतल्या रातचो वेद आमगेर? सुटये खातीर लेट न्हिदता काय?

'हाय', मम्मान म्हळें.

'हाय', कार्तिकान म्हळें. पूण कार्तिक सामको पुस्तक वाचपाक गुल्ल.

हो पुस्तक वाचता काय नदर चुकयता? आनी आई पप्पाय मुमुरखीं हासतात शीं?

'क्...क्...क्'

'आरे कसलो आवाज येता? पप्पा पळय मात्सो,' मम्मान म्हळें.

'कांय ना गो, हो वेद सोफार न्हिदला आनी पांय हालयता. ताजो आवाज तो'. पप्पान म्हळें. 'तुकां फ्रिजांतलें उदक दिवं? बेगीन जेव. न्हिदुया आमी?'

आं.. पप्पा आयज असो कितें उलयता काय? विशय बदलता. कारण हो टायम तर टी.वी. पळोवपाचो. न्हिदया खंय. बरें दिसना कांय?

'पप्पा, इल्लें दूद हाड रे', गौतमीन कुडींतल्यान म्हळें.

'आगो तूं आजून जागें आसा? आनी आतां दूद शें? जेवंक नागे तें?' मम्मान आईक विचारलें.

'आगे ते...' कार्तिकान एकदम तोंडार हात दवरलो.

कूं... कूं... कूं... परत आवाज.

मम्मा जेवतां जेवतां येवजूंक पडली. ही कसली भानगड?

'वेद,घरा वचना रे न्हिदपाक?' मम्मान विचारलें.

'काकी, आमकां सुटी पडल्या म्हूण हांव तुमगेर न्हिदूंक आयलां. काकान म्हज्या आईकडल्यान परमिशन घेतलां', वेदान पुस्तकांत पळोवनच म्हळें.

'आनी मम्मा तुमी न्हिदतकच हांव, दिदी, दद्दू सगळीं हॉलांत न्हिदतलीं' कार्तिकाक मम्माकडल्यान कितेंच लिपोवन दवरपाची सवंय नाशिल्ली.

'बरी आयडिया. मागीर हांवूंय न्हिदतां तुमच्या म्हच्यांत' मम्मान म्हळें.

'नाका, नाका', गौतमीन भितरल्यान म्हळें.

‘आगो आड्डता कित्याक? दूद पिलें तूं जाल्यार पेलो रांदचे कुडींत हाडून दवर’, अशें म्हणत मम्मा बॅसिनाकडेन हात धुवंक गेली, जाल्यार गौतमीच्या खाटीर दोन गुबगुबीत कापसाचे गुळे नाचतात आनी गौतमी बाटलेंत दूद घेवं ‘चू... चू...’ करत तांका धरपाचो यत्न करता.

खट्याक ! मम्माचो बल्ब पेटलो. गौतमी बेगीन कितें न्हिदता... टी. वी. बंद... वेदाचें रावपाक येवप.. वा.... व्वा.... आनी ह्या कटांत आईय सामील!

‘पप्पा’ मम्मान रागान म्हणून पप्पाक उलो केलो. पूण ते गुबगुबीत कापसाचे गुळे इतले सोबीत दिसताले की मम्मा तापोवंकच शकली ना.

‘पप्पा, चल त्या कुतूची मम्मा थंय लागींच आसा. तिकाय हांगा हाडुया आनी तिगांकय पोरसांत एक जागो करून दिंवया. चल, तें कोलूग बाबडें आपल्या पोरांक सोदता आसतलें.

‘मम्मा, आमी चॉको-गोगोक दवरले?’ कार्तिक.

‘मम्मा आमी त्या कुतूच्या मम्माक हाडुया’, गौतमी.

‘चोरांनो, म्हाका लिपोवंन कामा करतात? चलात, तीं बाबडीं मम्माखातीर रडटात. चलात, तांच्या मम्माक हाडुंया’.

‘हुर्रे!’ कार्तिक, वेद आनी गौतमी उमेदीन आड्डलीं.

‘व्वा लक्की’. कार्तिक, गौतमी आने वेदान म्हळें. वेदाच्या दोळ्यांत स्वताखातीर काकूळट आनी काकीखातीर कवतुक भरून आयलें. तीं सगळीं पायांत चपलां घालून चॉको-गोगो च्या मम्माक सोदूंक भायर सरलीं.

शाणू - गुणू

गौतमी आनी वेदाचो फ्लॅट आमने सामने. गौतमी धा वर्सांचें जाल्यार वेद अकरा. दोगांयची घट्ट इश्टागत. चड झगडपाची. वेद गौतमीचें पुस्तक दिवंक तांगेर गेल्लो. थंयच्यान आयलोच तो पांय आपटीत, दार आपटीत.

ताची आदळ आपट कित्याक म्हूण आवयन आपल्या पेपरावेली नदर ताचेर घुवंडायली जाल्यार हो कमरेर हात दवरून तिच्या सामकार उबो. ताचे फाटल्यान तेच पोजीन धाकटुलें ऋचा उबें.

'कितें जालें? गौतमी, कार्तिकाकडे झगडलीं? हांव येवचेना हां तुमचीं झगडीं मिटोवपाक. तुमचीं झगडीं तुमी मुकशियात'.

'तांगेर चॉको आनी गोगो हीं दोन कुत्रीं आशिल्लीं'. वेद कमरेर हात दवरून तकली हालयत, नाकपुडयो फुलयत फुसकारलो.

'कितें जालें तांका?' आवयन कपलार आटयो घालून विचारलें.

हीं दोनय कुत्र्यांचीं पिलां म्हळ्यार आवय-पुताच्या वादाचो विशय जाल्लो. 'आमकांय एक सुणो जाय' म्हूण वेद आनी ऋचा सदांच रडटालीं. जाल्यार ताच्या बाबाक आनी आईक दिसतालें, फ्लॅटांत कसलोच प्राणी पोसूंक हाडचो न्ही. जनावर घरांत दवरलें काय मागीर तेंच एक व्हड बंधन जाता असो मध्यमवर्गीय विचारय आईच्या मनांत येतालो.

'चॉको आनी गोगो आशां तांगेल' ऋचा.

‘हय गो, तांगेर चॉको आनी गॉगो आसल्यार तुमच्या पोटांत कित्याक दुखता? थंय वचून खेळात मरे. ताणी येवनाका म्हळां तुमकां? जॉयण्ट ओनरशीप करात मरे’ आईन आनी एक युक्त लडोवन विशय फाफुडलो.

“तेंच तर करतात न्हीं आमीं सद्दां! तुमकां आमी कुतू हाडया म्हळ्यार ‘गरज ना’ म्हणटात. हेंच उतर मेळटा सद्दां”. वेदाच्या दोळ्यांत वादळ दाटून आयिल्लें.

आईक वायट दिसलें. पूण कितें करतलीं? भुरग्यांनींय कांय गजाली शिकूंक जाय. काळीज घट्ट करूंक शिकोवंक जाय पालकांनीं.

“पूण आतां आमकां शाणू-गुणू जाय.” ऋचान वेदान तोंड उगडच्या पयलीं म्हळें.

शाणू-गुणू? आवय घुस्पली “बाय कोण जाय?”

"गौतमी कार्तिकागेर दोन मांजराचीं पिलां हाडल्यांत. तांचें नांव शाणू-गुणू" सकयल्या आनी थंड आवाजान वेदान म्हळें. ताच्या दोळ्यांतलें वादळ धुमशेतालें.

"शी! हीं आमचीं शेजाऱ्यां म्हणून कितें करतात? इतलीं जनावरां कित्याक पोसतात काय हीं!" वेदाचे आवयच्या मनांत विचार आयलो.

एकदम कुंय ऽ ऽ करून दार उगडलें आनी ढणण करून बंद जालें. कार्तिक आयिल्लो.

"जाणां तूं.........." कार्तिक.

"काकी, काकी बेगीन यो....." गौतमी दार धुकलून आयलें.

"काकी..." परत बाबड्या कार्तिकान तोंड उगडलें.

"जाणां, जाणां, तुमगेर दोन माजरां हाडल्यांत. एकटो शाणू



WORLD KONKANI LIBRARY
Accn No: 000852

आनी दुसरो गुणू. कळयलें आमकां. आतां तुमी वचात. तुमी दोगांय जाणां परत-परत कित्याक येतात आमगेर? चलात खेळात तुमच्या चॉको गॉगो आनी शाणू गुणू वांगडा.'' सगळी तिडक वेदान कार्तिक, गौतमीचेर मोखून मारली.

ताच्या दोळ्यांतलें वादळ तेंगशेर पाविल्लें.

गौतमी, कार्तिकाचीं तोंडां सामकीं बावलीं. हो राग, ही तिडक

आमचेर न्हय पूण काका काकीचेर हें गौतमीक कळटालें. गौतमीन ल्हवूच वेदाक हात लावन म्हळें, ''तूं यो न्ही आमगेर.''

''ना, हांव येनां'' वेदान फोर्सान म्हळें.

''या न्ही दद्दु तांगेर, म्हाका बिलू जाय'' ऋचान काकुळटेन म्हळें.

''ना ऋचा, आमी खंयच वच्चें न्ही. आमी फ्लॅटांत रावतात. फ्लॅटांतलीं मनशां दुसऱ्यांगेर वचनात. गौतमी, कार्तिक प्लीज तुमी तुमच्या घरा वचात'' वेदान तांचेकडेन पळय नासतना म्हळें.

‘‘दद्दा’’ कार्तिकान ल्हवूच म्हळें.

‘‘कार्तिक, शट अप् ॲण्ड गो’’ वेद आड्डलो आनी आपूणच धांवत आपले कुडींत गेलो. ढण्ण करून दार आपटलें. आवयक कळ्ळें. हाच्या दोळ्यांतलें वादळ घळघळ्ळां आसतलें.

कितलोसोच वेळ घरभर बर्फाळ थंडसाण पातळ्ळी. गौतमी, कार्तिक कितलोच वेळ वोग्गी उबीं रावलीं. वेदाची मम्मी पेपर तपासपाचे यत्न करताली. पूण तिचेंय आपल्या कामावेलें लक्ष उडिल्लें. ऋचा वेदाच्या दारार मारत, ‘‘दद्दा दार उगड’’ म्हण पराथतालें. पूण कांयच उपेग जायनाशिल्लो.

कांय वेळान गौतमी, कार्तिक आपल्या घरा परतलीं.

वेदाची आई उठली. ऋचाक घेवन फाटल्या पोरसांत गेली. तांचो फ्लॅट ग्रावंड फ्लोराचेर आशिल्ल्यान पोरसूं करपाक तांकां जागो मेळिल्लो. उदकाचें पायप नळाक लावन तिणें झाडांक उदक दिवंक सुरवात केल्ली. इतल्यान ऋचाच्यो किंळाच्यो, ‘‘मम्मा, मम्मा!’’

आं! काचाबूल जावन आईन ऋचाक पळयलें. पेरीच्या झाडा म्हऱ्यांतल्या मोगरेच्या माटवाकडेन तें उबें आशिल्लें. आनी ताच्या पायांकडेन ...

आरे! आई धांवत ऋचा म्हऱ्यांत गेली. ऋचा आपल्या पायांकडल्या गुठल्याकडे पळयत किटकिट्टालें. ताचे दोळे हांसताले. आईच्याय तोंडार हांसो फुल्लो. तिचे तकलेंत एक कल्पनां आयली.

‘‘वेद’’ तिणें वेदाक साद घालो.

तो येवचो ना हें ती जाणां आशिल्ली.

‘‘वेद हांगा यो कितें दाखयतां’’ परत तिणें वेदाक आपयलो.

“दद्दा हें पलय पोरसांत दोन.....”

“शू ऽ ऽ वोगी राव, आमी ताका सरप्रायज दिवया” आईन ऋचाक आडायत म्हळें.

त्या दोनूय गुठल्यांक उठोवन तिणें एका साकार दवरले. बेगीबेगीन घरांत वचून सदांच्या मेस्ताक फोन केलो. ल्हव आवाजान तिणें ताका कितें तरी सांगलें. तोय आपलो एम. एटीचेर फळीं आनी हेर सामान घालून बेगीबेगीन आयलो.

पोरसांत खाटखूट खाटखूट जातालें. वेदाच्या कानार हो आवाज पडटालो. खरें म्हळ्यार रडत रडत तो थंयच न्हिदून पडिल्लो. आता मेरेन ताचो रागय निवळिल्लो. पोरसांत आई आनी ऋचा कितें करता म्हूण पळोवपाक तो आपले कुडींतल्यान भायर सरून किचनाच्या दाराकडे आयलो.

ऋचान ताका पळयलें मात, तें सामकें खोशयेन आड्लें, "दद्दा, दद्दा पळय धाकलें घल....."

आईन मिश्किल हांसत वेदाकडे पळयलें. वेद भायर पोरसांत आयलो. मेस्तमामान एका कोनशाक फळयांचें ल्हान घरशें केल्लें. इतल्यांत ताची नदर साकावयल्या त्या काळ्याधव्या गुठल्यांचेर पडली "आई, आई....."

वेदाक खोशयेन तोंडांतल्यान उतरां फुटनां जालीं. तें घर, मेस्तमामा ..... आईच्या मनातली कल्पना वेदाक एकदम समजली.

"आई, हीं कुतूचीं पिलां आमी हांगा दवरून पोसुंया? हय मां...?" वेदान अविस्वासान विचारलें.

"दद्दू, हो राजा आनी ही राणी कुतू हां....." ऋचान त्या पिलांसरी थंयच पोरसांत बसकण मारीत म्हळें.

"मां, आर यू सिरियस? मां... बाबा?" वेदान आवयचो खांदो हालयत म्हळें.

"बाबा कांयच म्हणचोना. आमी ताका समजावया. पूण हीं पिलां हांगाच पोरसांत उरतलीं. ओके? आनी आमी ना तेन्ना गौतमीक हांकां जेवण दी म्हण सांगपाचें" आई.

"ओ.के. तें आमचेर पावलें!" किचनाच्या दारांत उबो आशिल्ल्या कार्तिकाच्या पप्पान म्हळें. आईची नदर गौतमी, कार्तिक आनी आपल्या शेजाऱ्यांचेर पडली आनी हीं कुत्र्याचीं पिलां हांगा पोरसांत कशीं पावलीं हाचें कुवाडें सुटलें.

ऋचा आनी बोमाडो

ऋचाक मातयेंत खेळपाक आवडटा. तें गेल्लें आत्येगेर मडगांवां. थंयच मातयेंत खेळ खेळ खेळळें आनी सामकें बुरशें जालें. ऋचाचे आईन सांगलें, 'बाय आतां खेळ पुरो. घरांत यो.'

पूण ऋचा आयकता? तें सामकें मस्तें. 'हां गे येतां' म्हळें आनी परत खेळपाक लागलें.

'ऋचा न्हाणयतां, यो. उदक काडून दवरलां तुकां,' परत ऋचाचे आईन ताका सादयलें.

शे! ऋचा मनार कशेंच घेना. मागीर आत्येन एक युक्त काडली. ‘ऋचा, टबांत न्हातलें?’

‘आं, हय’ म्हणीत उडक्यो मारीत ऋचा बद्द मान्यांत. आत्येगेर सिनेमांत दाखयता तसलो व्हडलो न्हावपाचो टब आशिल्लो. ऋचाक तो धाकटुलो स्वीमिंग पूलच दिसतालो. ताका थंय न्हांवपाची खूब उमेद आशिल्ली. पूण आई? शे, दोळे मोठ्ठे करून ‘ऋचा नाका!’ म्हण्टाली. पूण आतां तर आत्येनच आपयिल्लें.

‘आत्ये, बसूं हांव टबांत?’ आत्ये भिली. हें तीन वर्सांचे भुरगें. बुडकी माल्ल्यार? पूण तिणेंच तर आपयिल्लें. मागीर ना कशें म्हणपाचें? आत्येन हांसत म्हळें, ‘मात्शें राव हां, हांव आतांच येतां.’ ताचे आवयक आपयल्यार बरें अशें चिंतून आत्या भायर आयली.

हांगा मस्त्या ऋचान नळ सोडलो आनी सुशेगाद उदकांत देवलें. पूण सिनेमांत तर ताणें उदकांत बोमाडे येतना पळयिल्ले. वयर आशिल्लो सर्फाचो डबो. ऋचाक खंय खबर तें कितें म्हुणून? काडलो आनी रकयलो उदकांत. जालें! टांकीभर बोमाडेच बोमाडे. ऋचा खूश. हांसत ताळयो मारूंक लागलें.

इतल्यान एका धाकट्या बोमाड्यान दुसऱ्या बोमाड्याक खालो. तो मात्सो मोटो जालो. त्या बोमाड्यान आनीक एक बोमाड्याक खालो. तो आनिकय मोटो जालो. ताणे मागीर तिसऱ्या बोमाड्याक खालो. अशें करून करून एक व्हडलो बोमाडो जालो.

त्या व्हडल्या बोमाड्यान आपलें तोंड उगडलें आनी ऋचाकच खालो. इतल्यान फॅनाचो वारो टबावटेन लागलो आनी तो व्हडलो बोमाडो ऋचासयत उडत जनेलांतल्यान भायर आयलो.

बोमाडो ल्हवू ल्हवू वयर सरपाक लागलो. ऋचा 'आई गेऽऽ बाबा रेऽऽ' करून रडपाक लागलें. पूण सायबा भोगोस, ताचो कांयच उपेग जालो ना.

बोमाडो उडत उडत वयर सरपाक लागलो. वतां वतां तो चांदीमामाच्या लागीं पावलो. कोण तरी मोठ्यामोठ्यान रडटां हें चांदीमामाच्या कानार आयलें. ताणें आपलो हात लांब करून बोमाड्याक आडायलो. ताका भितर बशिल्लें ऋचा दिसलें.

चांदीमामान ताका विचाल्लें, 'कितें जालां गो बाय तुजें, कोणालें तूं?'

'हांव ऋचा. हांव म्हज्या आई-बाबालें. म्हाका ह्या बोमाड्यान चोरून हाडलां. म्हाका म्हजी आई जाय. आई ऽ ऽ ऽ' ऋचान रडत म्हळें.

चांदीमामान दोळे तांबडे करीत बोमाड्याक तापयलो. 'कितें रे बोमाड्या. ऋचाक कित्याक हाडलां हांगा, आं? देवबाप्पाक सांगू तुजें नांव?'

६‘नाका, नाका सायबानू, चूक जाली. खरें म्हळ्यार हांव ऋचाचीं फकाणां करतालों. पूण हांव एक फावटी वयर सरपाक लागलों, तो म्हाका सकयल कशें देंवप हेंच कळना जालें. आतांय म्हाकां सकयल कशें वचप तें कळना.’

चांदीमामाचीं उतरां आयकून ऋचा आनीक मोठ्ठ्यान रडपाक लागलें. चांदीमामान ताका थातारलो आनी वाऱ्यामामाक उलो मारलो, ‘वाऱ्या, ऋचाक आनी बोमाड्याक मात्सो तांचे आत्येगेर व्हरून पाय पळोवया’.

‘पूण चांदीमामा, तांकां धुकलताना चड फॉर्सान वचून तीं खंयूंय आपटलीं जाल्यार? बोमाडो फुट्टलो आनी ऋचा सकयल पडटलें,’ वाऱ्यान भिरांत उक्तायली.

हाय सायबा! आतां कितें करप?

‘ना, ना, हांव फुटचों ना. हांव सामकों घटमूट आसां,’ बोमाड्यान सांगलें, ‘व्हर तूं आमकां वाऱ्यामामा’.

‘वोगी राव रे बोमाड्या. चितूं दी आमकां. पयलीं त्या बाबड्या ऋचाक त्रासांत घालां आनी आतां शापोतां सांगता?’ वाऱ्यामामान बोमाड्याक तापयलें.

‘आयडिया!’ चांदीमामाक आयडिया येवजली. ताणें वाऱ्यामामाक सांगलें, ‘कुपमामीक आपय’.

वारो धांवत धांवत गेलो आनी पळत पळत कुपमामीक घेवन आयलो. चांदीमामान मागीर कुपमामीक ओर्द सोडली, ’ऋचाक ताचे आत्येगेर व्हरून सोड’.

कुपमामीन म्हळें, ‘बरे भशेन’.

कुपमामीच्या फाटीर बसलें बोमाड्यांतलें ऋचा! वाऱ्यामामान कुपमामीक धुकलत धुकलत सकयल व्हेलें आनी आत्येच्या बंगल्याचे गच्चेर व्हरून सोडलें.

बोमाड्यान ल्हवूच आपलें दार उगडलें. ऋचा भायर आयलें. वारोमामा आनी कुपमामीचे उपकार मानले. बोमाड्याक रागान पळयलें आनी धावत घरांत गेलें. खाट पळयली आनी ऋचाक दिसलें न्हिदचें. इतलो प्रवास केल्लो बाबड्यान. उश्याचेर तकली लागता

म्हणसर ऋचा घोरेवंक लागलें.

इतले मजगतीं सगळीं घरांतलीं ऋचाक घरभर सोदतालीं. ऋचा टबांत ना, टॉयलेटांत ना, घरांत ना दारांत. ऋचाची आई तर रडपाक बसली. परत एकदां घरांत सारकीं सोदयां म्हण वेल्या बेडरूमांत पळय जाल्यार ऋचा सुस्त न्हिदलां.

न्हिंदू बाबडें, वतांत खेळून खेळून थकलां अशें आई आनी आत्येक दिसलें आनी तीं ल्हव पावलांनी बेडरूमांतल्यान भायर सरलीं.

तांकां खंय खबर ऋचाचो बोमाड्यांतलो मळब-प्रवास?

852
Story = Dev
PRA

प्रशांती तळपणकार

प्रशांती तळपणकार. वेवसायान महाविद्यालयांत अध्यापक. नामनेची नाट्य आनी सिने कलाकार. राज्य पावंड्यार सिनेमा आनी नाटकांतल्या उत्कृश्ठ अभिनयाखातीर कितलीशींच इनामां. कला अकादमीच्या एकांकी सर्तींनी नाट्यलेखनाखातीर इनामां. विद्यार्थी चळवळींत आसतना रस्ता नाट्य चळवळींत म्हत्वपूर्ण वांटो.

विद्यार्थी दशेसावन चळवळी व्यक्तिमत्व. प्रॉग्रेसिव्ह स्टुडंट्स युनियनाची क्रियाशील वावुरपी. उपरांत युवक आनी कामगार चळवळींतय वावर. स्त्री मुक्ती चळवळींत घसघशीत वावर. रस्त्यार म्हाल विकून पोट भरपी भुरग्यांमदीं शिक्षणीक आनी सामाजीक वावर. समता आंदोलनासारक्या कितल्याशाच प्रागतीक विचारांच्या संघटनांची वांगडी. सामाजीक वावराखातीर प्रतिश्ठेच्या मित्रा बीर पुरस्कारान सन्मानीत.

कविता, कथा आनी माणकुल्यांखातीर बरयल्ल्यो काणयो दिसाळीं आनी नेमाळ्यांनी प्रकाशीत. नवसाक्षरांखातीर बरयल्ले कथेक 2002 वर्साचो राष्ट्रीय पुरस्कार. हाचे आदीं 'टुटूश' हें बाल काणयांचें पुस्तक प्रकाशीत.